**Panaji national news 12 April 2026,6.30pm**

**नारी शक्ति**

बायलां आरक्षण कायदो खऱ्या भावनांनी चालीक लावपाचो वेळ आयला आनी 2029 वर्साची लोकसभा वेंचणूक आनी विधानसभा वेंचणूक बायलांचो कोटा जाग्यार दवरून जाता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.संसदेच्या तीन दिसांच्या खाशेल्या बसके आदीं लोकसभा आनी राज्यसभेच्या मजलो फुडाऱ्यांक बरयल्ल्या पत्रांत श्री मोदी हांणीय बायलां आरक्षण कायद्यांत दुरुस्ती करपा खातीर सगळ्या वांगड्यांक एकठांय येवपाक सांगलां, जाका अधिकृतपणान नारी शक्ति वंदन अधिनियम अशें म्हण्टात. प्रधानमंत्र्यान 11 एप्रीलाच्या आपल्या पत्रांत सांगलां की, व्हड विचारा उपरांत आमी ह्या निश्कर्शाचेर पावल्यात की आतां नारी शक्ति वंदन अधिनियमाची खऱ्या भावनांनी देशभर चालीक लावपाचो वेळ आयला.

**उपराष्ट्पती सी. श्री राधाकृष्णन**

उपराष्ट्पती सी. श्री राधाकृष्णन हांणी आयज नवी दिल्लींत विज्ञान आनी तंत्रीक हस्तक्षेपा वरवीं आदिवासी जिणेचें रुपांतर – भास, श्रध्दा आनी संस्कृताय सांबाळप ह्या नांवान जाल्ले परिशदेचें उक्तावण करतना अशें सांगलें. कि भारत सरकाराच्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खात्यान ईशान्य सेंटर फॉर टेक्नॉलॉजी अप्लिकेशन अँड रीच (नेक्टर) आनी आयटीआयटी दून संस्कृति शाळा, देहरादून हांच्या सहकार्यान ही परिशद घडोवन हाडली. भारतांतल्या आदिवासी वाठारांनी पाचव्या अर्थीक उदरगतीची म्हत्वाची संद मेळटा, देशांतल्या वट्ट लोकसंख्येच्या सुमार 9 टक्के लोकसंख्येच्या सुमार 1.4 लाख आदिवासी गांवांनी रावपी लोकाक संबोधीत करतना उपराष्ट्रपती हांणी नदरेक हाडलें.

**आशा भोसले**

नाम्नेचे  गायिका आनी पद्म विभूषण पुरस्कार फावो जाल्ली आशा भोसले आयज मुंबयंत पिरायेच्या 92 व्या वर्सा निधन जाली. महाराष्ट्राचे सांस्कृतीक मंत्री आशीष शेलर हांणी हॉस्पिटलाच्या भायर प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना ही खबर पुष्टी केली. तिचे निमाणे संस्कार फाल्यां सांजवेळा 4 वरांचेर शिवाजी पार्कांत जातले. छातीचेर संसर्ग जाल्ल्यान

आनी थकवाक लागून काल सांजवेळा मुंबयच्या खाजगी हॉस्पिटलांत तिका दाखल केल्ली अशी म्हायती तिची नातू ज़ानाय भोसलेन सोशल मिडियाचेर दिली.आशा भोसले ही आर्विल्ल्या भारतीय संगीतांतली एक व्हड गायिका म्हणून सगळेकडेन मानताले, तिची कारकीर्द कितलेशेच दशक पातळ्ळी. १९३३ वर्सा नामनेच्या मंगेशकर घराण्यांत जल्मल्ली तिणें पिरायेच्या णव वर्सांचेर गायनाची सुरवात केली. १९४३ वर्सा तिणें आपलें पयलें चित्रपट गीत रेकॉर्ड केलें आनी १९५० च्या दशकामेरेन हिंदी सिनेमांत तिणें आपली एक वेगळी वळख स्थापन केली. दशकां भितर ती एक चड मागणी आशिल्ली प्लेबॅक गायिका उरली, तिणें ह्या उद्देगांतल्या मुखेल संगीत संगीतकारांक वांगडा काम केलें.

**भारतीय रेल्वे**

भारतीय रेल्वे पीएम गति शक्ती राष्ट्रीय मुखेल येवजणे खाला विस्तार करता, 2025-26 वर्सा 1.53 लाख कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक करून स हजार किलोमीटरां परस चड रेल्वे नेटवर्काचो आस्पाव केला. फाटल्या अर्थीक वर्साच्या तुळेंत हो विस्तार 110 टक्क्यांनी उणी दाखयता. अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. तातूंत म्हणलां की, 2025-26 वर्सा नवे मार्ग, डबलिंग, मल्टीट्रॅकिंग आनी हेर कामांचो आस्पाव आशिल्ले वट्ट 100 रेल्वे प्रकल्प मंजूर केल्यात, जातूंत समावेशक वाड, राष्ट्रीय एकात्मता आनी निमाण्या मैल जोडणीचेर खासा लक्ष केंद्रीत केलां.

**भारतीय नौदल**

भारतीय नौदल मंगळारा सावन नवी दिल्लींत सेनापती परिशद 2026 ची पयली आवृत्ती घडोवन हाडटली. तीन दिसांच्या परिशदेंत राष्ट्रीय दर्यावेल्या हिताची राखण करपा खातीर, क्षमता वाडोवपा खातीर आनी राष्ट्रीय सुरक्षा उद्दिश्टां कडेन रणनिती जुळोवणी करपा खातीर नौदळाच्या कार्यकारी मुद्राचो व्यापक नियाळ घेवपा खातीर एक माची मेळटली अशें संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

**अमरनाथ यात्रा**

वर्सुकी अमरनाथ यात्रा अंदू 3 जुलयाक सुरू जातली आनी 28 ऑगस्टाक रक्षाबंधन दिसा सोंपतली आनी ती 57 दिसांची आसतली. ज्येष्ठ पूर्णिमाक संयोगान 29 जून दिसा

शिवाच्या आशीर्वादाची आवाहन करपाची प्रथम पुजा जातली अशें उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हांणी सांगलें.जम्मूच्या लोकभवनांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना उपराज्यपालांनी ऑनलायन आनी ऑफलायन दोनूय मोडांतल्यान 15 एप्रीलाक आगाऊ नोंदणी सुरू जातली अशें जाहीर केलें. देशभरांतल्या जम्मू-काश्मीर बँक, पंजाब नशानल बँक, भारतीय स्टेट बँक, येस बँक अशा मुखेल बँकांच्या 554 शाखांनी नोंदणी सुविधा मेळटली.

**आनी खेळांत क्रिकेट:**

इंडीयन प्रिमीयर लीग क्रिकेट खेळां सर्तींत आयज मुंबय इंडीयन्स आनी रोयल चेलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा मदीं खेअंतर जातलो. हो खेळ  सांजे  साडेसात वरांचेर मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर खेळयतले.